# टॅक्सीक मिटर, स्पीड गवर्नरस् बसोवपाचो निर्णय दोन आठवड्याभितर

ता. 23 नाव्हेंबर 2017
2 मार्गशीष 1939

टॅक्सी युनियनाचे प्रतिनिधी आनी सरकारी अधिकाऱ्यांची काल जाल्ल्या बसकेत टॅक्सीक मिटर आनी स्पीड गवर्नरस् बसोवपाच्या प्रस्नाचेर चर्चा जाली.

मंत्रालय आनी येरादारी खात्याबरोबर चर्चा करून दोन आठवड्याभितर ह्या प्रस्नाचेर उपाय काडपाचे उतर सरकारान दिला.